**लोकसभा सचिवालयात कोंकणी भाशे खातीर सल्लागार दुभाशी पदांची कंत्राटी तत्वांचेर भरती**

ता. 17 नोव्हेंबर 2025

लोकसभा सचिवालयात कोंकणी भाशे खातीर सल्लागार दुभाशकांची (Consultant Interpreters) कंत्राटी तत्वांचेर सूची करपा खातीर लोकसभा सचिवालयान पात्र आनी इत्सूक भारतीय नागरिक आनी लोकसभा आनी राज्यसभा सचिवालय, राज्य विधानसभा सचिवालय, स्वायत्त सस्थां, केंद्रीय/राज्य भौशीक क्षेत्र आस्थापना, सर्वोच्च आनी उच्च न्यायालय आनी थळाव्या सस्थांतल्या निवृत्त कर्मचा-यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्जदाराची पिराय 22 ते 70 वर्सा आसची. इत्सूक अर्जदारांनी चड म्हायती खातीर http://sansad.in/ls/recruitment ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची. पात्र आनी इत्सूक उमेदवारांनी थेट लोकसभा सचिवालयाच्या भरती शाखेत अर्ज करचे. अर्ज करपाची निमाणी तारीख 28 नोव्हेंबर 2025 सांजेच्या 6.00 वरा मेरेन आसा, अशें राजभाशा संचालनालयान कळीत केला.

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.